2018 III 19 | 1000 | Seat No. :

Time : 2½ Hours

# KONKANI LANGUAGE – II (New Pattern)

Subject Code

| H | 4 | 2 | 2 |
|---|---|---|---|

Total No. of Questions : 8 | (Printed Pages : 7) | Maximum Marks : 80

*सुचोवण्यो : i) दरेकी प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.*

*ii) प्रस्न आनी उप–प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.*

*iii) सगले प्रस्न संक्तीचे आसात.*

*iv) उजवे वटेन बरयल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.*

1. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** विधानांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात : **[10]**

क) गोंयकार जगाभायले न्हय. तांकांय उसळूं येता.

ख) ''सवकास पांय घाल हां हांगा खरच्यांडो मेळटल्यो''.

ग) ''कांय नाका म्हाका तुर्जी काण्णां चुन्नां''

घ) संवसारांतल्या आनीक खंयच्याय वेवसायांत ही पुजेची प्रथा ना.

2. क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **8** ते **10** उतरांनी बरयात: **[2]**

अ) सैमाचे दोहन करप म्हळयार किर्ते ?

आ) कारवारचो सांते बाजार खंयच्या दिसा भरता ?

इ) शामील्या मुखामळाची सर्त दोतोर अरूणान कोणाकडेन केल्ली आसा ?

ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **40** ते **45** उतरांनी बरयात : **[6]**

अ) मामागेर पावतकच रमेशाक खंयचे बदल दिसले ?

आ) भुरग्यान अर्द-फुटकें ताट आरमारींत कित्याक सांबाळून दवरिल्लें ?

इ) अब्दुलाचो आत्मविश्वास वाडोवपाचें काम गांवातल्या दोन मनशांनी कशें तरेन केलें ?

ई) दुर्योधनाच्या व्यक्तीमत्वाचें चित्रण करात.

3. क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन पद्यांशांचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात : **[8]**

अ) मृदंगाचो बोल जसो

दुदाचो घसघसो

पानां पोवनां मारता मोखून

वाऱ्यावांगडा पिंपळ पिसो.

आ) माजार बसलां हुमरो राखीत

गोठयां म्हसरां हांबे हांबे

भुरकटून नाचता लापीट.

इ) कुंडी फोडिल्लीं झाडां

खुबूच व्हड जायत गेलीं

त्या झाडांच्या वाडीर हांवेंय

अभिमानान छाती फुलयली.....

ई) मर्तित मृदंगां भोंवर आंगां

हंसाळ चांफीं उतरा उतरा

रंगां, गंधां, नादां अवसर

तनऱ्यो तनऱ्यो तरण्या पारा.

ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 30 ते 35 उतरांनी बरयात : [6]

अ) ''हाड चेडवा बुडकुलो'' कवितेंत मोगी तरणाटयाची बंडखोर वृत्ती कशे तरेन दिसून येता ?

आ) ''एक हावेस'' कवितेंत कवी समाजांतल्यो खंयच्यो गजाली भायर मारूंक सोदता ?

इ) ''होळी'' कवितेंतल्यान कवी आमकां कितें सांगता ?

ई) ''सगळें आतां इतिहासजमा'' हे कवितेंत कवयित्री खंयच्यो गजाली इतिहासजमा जाल्यात अशें म्हणटा ?

4. क) सकयल दिल्ली खंयचींय चार वाक्यां कंवसांत सुचयिल्ले प्रमाण बदलून बरयात : [4]

अ) पर्यावरणाच्या हया साबार प्रस्नांचेर उपाय कितें ? (न्हयकारी करात)

आ) ज्या समाजांत जाण्टयांची विपश्टा जाता तो समाज वयर सरना. (प्रश्नार्थक करात)

इ) म्हज्या पोराक सांबाळून हाडशात ? (आज्ञार्थी करात)

ई) भर्जी तळून जायनाफुडें शामी म्हाका (जेवप) आपयता. (कंवसात दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात)

उ) काळजार फातोर <u>धवरून</u> तांणी भयणीकडल्यान पयशे घेतले. (सकयल आडी मारिल्लें उतर शुद्ध करून वाक्य परतून बरयात)

ख) सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात: [2]

अ) भुरग्याक बिचारतकीर तार्णे दिल्ली जाप आयकून सगळे <u>तटास जाले</u>.

आ) शिक्षक भुरग्यांच्यो चुको व्हडल्या मनान <u>पोटांत घेता</u>.

(खंती जावप, अजापीत जावप, माफ करप, पाळो दिवप)

ग) सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचें फावो तें रूप रित्या सुवातीनी घालून ओळी पुराय करून बरयात : [2]

शिक्षणान मनीस गिन्यानी ......... गिन्यान मनशाची विवेकबुद्धी ..........

(जावप, उरप, जागोवप, सांबाळप)

5. क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन उतरांचीं उरफाट्या अर्थाचीं उतरां बरयात : [3]

अ) सामान्य

आ) खरें

इ) येस

ई) शिस्त

ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन उतरांची विशेशणां करात : [3]

अ) त्याग

आ) धर्म

इ) भव्यताय

ई) मोल

ग) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन उतरांचीं भावनामां करात : [3]

अ) घट

आ) इश्ट

इ) विविध

ई) मनीस

घ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** ओपारींचे अर्थ बरयात : [3]

अ) कुड्डो मागता एक दोळो आनी देव दिता दोन

आ) सवाय खाण पोटफुगों

इ) हांगा न्हंय, थंय बांय

ई) कावळो बसपाक खांदो मोडपाक एक जावप

उ) रेडयापाडयाचें झगडें आनी वयेचेर काळ

6\. क) वॉट्सॲपाचो तरणाटयांचेर जावपी परिणाम हया विशयाचेर तुमी तुमच्या इश्ट । इश्टीणी वांगडा केल्लो संवाद **10** ते **12** वाक्यांनी बरयात. [5]

ख) निशिगंधा उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजीत केल्ल्या ''पत्र लेखनाची कार्यशाळा'' कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका/आपोवणे तयार करात. [5]

7\. क) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात :

मनशाक ज्ञान-विज्ञान दिवपी, ताजी विवेकशक्त जागोवपी, ताजी बुद्द घांसून-पुसून चकचकीत दवरपी साधन म्हळयार पुस्तकच जावन आसा. एका काळार पुस्तक हें दुर्मीळ आसतालें. आज वाचन मंदिरां आनी पुस्तकांचीं दुकानां जळामळाक आशिल्ल्यान जाका पुस्तक वाचपाचें आसा ताका तें सोंपेपणान मेळूं येता. अशें आसतनाय जर मनीस वाचूंक आळस करता आसत जाल्यार ताका कर्मकट्टोच म्हणचें पडटलें.

कांय लोक पुस्तकां सोबेची वस्त कशी घरांतल्या आरमारींनी खेळणी आनी बावल्यो दवरतात तशी दवरतात. त्या पुस्तकांक कोणूच हात लायनात. फक्त सोबेच्या वस्तूसारकीं तीं उरतात. एकेभाशेन असले लोक साहित्य बंदिस्त दवरपाचो गुन्यांव करतात. पुस्तकाचो खरो आनी बरो उपयोग म्हळयार तें वाचप. जितले चड् लोक एक पुस्तक वाचतात तितलो पुस्तकाचो अदीक बरो उपयोग जाता. ''गाढवाक गोडाची रूच खबर नासता'' म्हण्टात. तशी पुस्तकां बंदिस्त दवरप्यांक साहित्याची व्हडवीक खबर नासता. घरांत पुस्तक आसूनय जो वाचीना ताजी गत गंगेंतल्या फातरासारकी आसता. लोक गंगेंत न्हावन पावन जातात, पुण ते पात्रांतल्या फातरांच्या आंगावयल्यान रात-दीस गंगा व्हांवली तरी ते फातरच उरतात.

प्रस्न :

अ) पुस्तकां सोंपेपणी खंय मेळूं येतात ? [1]

आ) कांय लोक घरांत पुस्तकां कशीं दवरतात ? [1]

इ) पुस्तकां आरमारीत दवरिल्ल्यान कसलो गुन्यांव जाता ? [1]

ई) वयल्या उताऱ्यांत खंयच्या म्हणीचो वापर केला ? [1]

उ) उताऱ्याक फावोसो माथाळो दियात. [1]

ख) सकयल दिल्ली जायरात वाचून रिया/रमेश रायकार, घर नं. 50, नायका वाडो, कळंगूट बार्देस गोंय, साकून सकयल दिल्लया पदाखातीर अर्ज करता, अशें समजून बरयात : [5]

| |
|---|
| गरज आसा<br>बँक मॅनेजर<br>शिक्षणीक पात्रताय : बी कॉम<br>– संगणक विशयाचें ज्ञान<br>कोंकणी भाशेंचे गिन्यान<br>अणभव – एक वर्स<br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात<br>संपर्क : मुख्य अधिकारी,<br>सारस्वत बँक,<br>म्हापसा गोंय. |

8. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात: [8]

अ ) एका शिक्षकाची आपजीण

आ) गोंयकारांचे जिणेंत माडाचे म्हत्व

इ) बरी भलायकी : सुखी जिवीत

ई) आत्माविश्वास – मनीस जिणेचो कणो